गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो मजलो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक . 12 वर्स 2024**

**13/12/2024 दिसा प्रकाशीत**

सकयल दिल्ल्यां पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात.

**प्रतिनियुक्तीचेर बदली केल्लीं पदां सोडून हेर सगळया पदां खातीर अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 27-12- 2024 आसा.**

**फकत प्रतिनियुक्तीचेर बदली रुपान पदांचे अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 27-01-2025 आसा.**

ऑनलायन अर्ज करपा खातीर आयोगाचें संकेतथळ https://gpsc.goa.in वा गोंय सरकारचें पोर्टल https://cbes.goa.gov.in. चेर पळोवचें.

ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां, भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार आनी वरिश्ठ तंत्रिकी विज्ञानीक पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारशीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, **"सुचोवण्यांत"** नमूद केल्ल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

टीप:1) अर्ज योग्य रितीन भरल्या उपरांत, उमेदवारांनी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें, अर्ज शुल्क भरचें पडटलें.

ए) ऑनलायन

- ऑनलायन फारीकणी करची.
- यशस्वी स्थिती दाखोवपी ई- पावती डावनलोड करची.

बी) ऑफलायन

- ई- चलन निर्माण करचें.
- गोंयांत आशिल्ल्या खंयच्याय एसबीआय फाट्यांत फकत निमणे तारखेक वा ताचें आदीं रोख फारीकणी करची (ई- चलनाची वैधताय ई-चलन निर्माण जाल्या उपरांत सात दिस मेरेन आसतली)
- ह्या ई- चलनाचेर बँकेचो शिक्को गरजेचो आसा.
- अर्ज सादर करपाचे निमणे तारखेक वा ताचे आदीं आयोगाच्या कार्यालयांत शिक्को मारिल्लें ई- चलन सादर करूंक जाय.

2) फारीकणी यशस्वी जाल्या उपरांतूच उमेदवारांक आपलो अर्ज  डावलोड करूंक मेळटलो.

3) निमाणें तारखे उपरांत शुल्क फारीक केल्लो अर्ज रोखडेंच न्हयकारतलें आनी हे फारीकणीचो परतावो जावचो नां.

4) अर्जात उमेदवाराचो ईमेल पत्तो आनी मोबायल क्रमांक चूकनासतना दिवपाक जाय. आयोग उमेदवारांच्या अर्ज संबंदीत सगळे संपर्क ईमेल पत्त्याचेर/मोबायल क्रमांकातल्यान धाडटलें. सगळया उमेदवारांक तांच्या अर्जा संबंदीत अद्यावत/ कळोवणी खातीर तांचे ईमेल/खातें/ मोबायल फोन/आयोगाचें संकेतथळ नेमान तपासपाचो सल्लो दितात.

**टिप: जायरातीचे अणकारींत आवृत्तीत इंग्लीश आवृत्ती परस खंयच्योय विसंगती दिसल्यो जाल्यार त्यो प्रामाणीत मानतलें.**

<u>I.भौशीक भलायकी खातें</u>

<u>भलायकी सेवा संचालनालय</u>

<u>प्रतिनियुक्तीचेर बदली करून</u>

वरिश्ठ चिकित्सक (Senior Surgeon) प्रतिनियुक्तीचेर बदली करून ….. 2 पदां (अनारक्षीत) (4थे फावटी)

वेतन श्रेणी: रू.15,600-39,100+6,600/-(पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें)

शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः-

आवश्यक:– केंद्र/ राज्य सरकार प्रशासनाचे अधिकारी

(a) (i) नेमान समान पदाचेर आशिल्ले; वा

(ii) रू. 8000-275-13500 (पूर्व- सुदारीत) प्रमाणांत 5 वर्सां नेमान सेवेंत आशिल्ले आनी

(ब) थेट भरती जावप्यां खातीर थारायिल्ली शिक्षणीक पात्रताय आनी अणभव आशिल्ले.

(i) भारतीय वैजकी कायदो, 1956( 1956 चो 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II( सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 च्या कलम 13 पोट कलम (3)त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) पदव्युत्तर पदवी नासल्यार, त्या क्षेत्रांतली विशेश पदविका. (iii) पदव्युत्तर पदवी मेळयल्या उपरांत संबंदीत विशेशतायेंत 3 वर्सां वा पदव्युत्तर पदविका उपरांत 5 वर्सां जापसालदारकेच्या पदाचेर काम केल्लें आसूंक जाय .

<u>थेट भरती वरवीं</u>

कनिश्ठ शल्यचिकित्सक (Junior surgeon) …. 1 पद (हेर मागास वर्गियां खातीर आरक्षीत) 3 रे फावटी

वेतन श्रेणी: 15,600 - 39,100 + 5,400 (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें) पिराय - 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना

शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः

आवश्यक –(i) भारतीय वैजकी कायदो, 1956( 1956 चो 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II ( सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 च्या कलम 13 पोट कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय (ii) पदव्युत्तर पदवी नासल्यार, त्या क्षेत्रांतली विशेश पदविका. (iii) पदविका धारकाक, पदव्युत्तर पदविका मेळयल्या उपरांत संबंदीत विशेशतायेंत जापसालदारकेच्या पदाचेर 2 वर्सां काम केल्ल्याचो अणभव (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक :– मराठीचें गिन्यान

## II. बायलां आनी भुरगीं विकास संचालनालय

परिविक्षा अधिकारी (अस्तुरी) (Probation Officer) (Female) …. 2 पदां (1 पद दिव्यांग व्यक्ती खातीर आरक्षीत) (अंधत्व आनी कमी दिसप) आनी 1 पद सीएफएफ खातीर आरक्षीत) (5 वे फावटी)

टीप 1: जरी दिव्यांग व्यक्तीच्या वर्गांत उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, ताका दिव्यांगत्वाच्या चार वर्गांनी अदला-बदल करून भरूं येता

वेतन श्रेणी: रू. 9,300-34,800 + GP 4600/- (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो-7 प्रमाणें)

पिराय - 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापीठ वा तत्सम संस्थेंतल्यान पोशण वा भुरगें विकास हो विशय घेवन समाज सेवा / समाज कल्याण / समाज कार्य / समाजशास्त्र / मानसशास्त्र / गृह विज्ञान हातूंत मास्टर पदवी. (ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छीक: मराठीचें गिन्यान.

<u>III. उच्च शिक्षण संचालनालय</u>

<u>सरकारी म्हाविद्यालय</u>

सहाय्यक प्राध्यापक :

1.इंग्लिश ……2 पदां (अनारक्षीत) (2 पदांतले **1** पद दिव्यांग व्यक्ती खातीर आरक्षीत (अंधत्व आनी कमी दिसप)

2. भुगोल …..4 पदां (3 - अनारक्षीत,1-हेर मागास वर्गियां खातीर आरक्षीत) 4 पदांतले **1** पद दिव्यांग व्यक्ती खातीर आरक्षीत (सेरेब्रल पाल्सी ,कुश्टरोगांतल्यान बरो जाल्लो , गिड्डो ,ऍसीड हल्ल्याचो बळी आनी मस्कूलर डिस्ट्रॉफी सयत लोकोमोटर अपंगत्व)

3. प्राणीशास्त्र …… **1** पद (दिव्यांग व्यक्ती खातीर आरक्षीत) (सेरेब्रल पाल्सी ,कुश्टरोगांतल्यान बरो जाल्लो ,गिड्डो , ऍसीड हल्ल्याचो बळी आनी मस्कूलर डिस्ट्रॉफी सयत लोकोमोटर अपंगत्व)

4. रसायनशास्त्र (भौतीक) …..2 पदां ( अनारक्षीत) (2 पदांतले **1** पद दिव्यांग व्यक्ती खातीर आरक्षीत(भेड्डो आनी कमी आयकप)

**वेतन श्रेणी:** रू. 15,600-39,100+6,000/- (पूर्व-सुदारीत( (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें)

पिराय - 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक :** (I) भारतीय विद्यापिठांतल्यान संबंदीत विशयांत पदव्युत्तर पदवी पांवड्यार उण्यांत उणे 55% गूण वा तत्सम श्रेणी घेवन बरी शिक्षणीक नोंद, वा विदेशी विद्यापिठांतल्यान तत्सम पदवी. (ii) सहाय्यक प्राध्यापक म्हूण नेमणुके खातीर राष्ट्रीय पात्रताय परिक्षा (एनईटी) / राज्य स्तरीय पात्रताय परिक्षा (एसईटी) ह्या परिक्षांची आवश्यकता सक्तीची आसतली: पूण ज्या उमेदवारांक पीएच.डी प्राप्त जाल्या वा मेळ्ळया, जी “विद्यापीठ अनुदान आयोग (पीएच.डी पदवी

खातीर किमान मानक आनी पद्धत), नियमन 2009 चें पालन करून दिल्या, तांकां म्हाविद्यालयांत प्राध्यापक वा त्या पांवड्या वयल्या पदा खातीर भरती वा नेमणूक करतना एनईटी/एसईटी चे किमान पात्रताये पासून सूट मेळटली." (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छीक: (i) संबंदीत विशयांत पीएच.डी वा एम. फील. (ii) मराठीचें गिन्यान.

*अनुसुचीत जात/अनुसुचीत जमात/हेर मागास वर्गीय/दिव्यांग व्यक्ती ह्या वर्गां खातीर पदवीधर आनी मास्टर स्तराचेर पात्रतायेच्या निकशांत आनी शिक्षणीक पदांचेर थेट भरती करतना बऱ्या शिक्षणीक नोंदीचें मुल्यांकन करूंक 5 टक्के सूट दिवं येता.